**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 07 वर्स 2026**

**10.07. 2026 दिसा प्रकाशीत केल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24.07.2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:**1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को आसप गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज, रोखडोच न्हयकारतले आनी हे

फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकय नासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्जा संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल नाम्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचीं ईमेल/खातीं/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारीत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार इंग्लीश प्रत प्रमाणीत मानतले.**

## I. <u>बंदर कप्तान खातें</u>

1. बंदराचो उप- कप्तान (Deputy Captain of Ports).......... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणीः वेतन मॅट्रीक्स टप्पो 11 प्रमाणें** पिरायः 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यकः** (i) मास्टर ऑफ फॉरेन गोईंग स्टीमशिप म्हूण योग्यतायेचें प्रमाणपत्र (पुराय राष्ट्रकुलांत वैध).

(ii) भारत सरकाराच्या मर्कंटायल मॅरीन खात्यान जारी केल्लें सायट टॅस्ट इन्फोर्म व्हिजन प्रमाणपत्र.

(iii) फॉरेन गोईंग स्टीमशिपांत मुखेल अधिकारी म्हूण सुमार 5 वर्सांचो अणभव.

(उमेदवार हेर तरेन पात्र आसल्यार आयोगाचे सुचोवणे प्रमाणें पात्रताय सवलतीक पात्र आसूंक शकता.)

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :** (i) मराठीचें गिन्यान.

(ii) अंतर्देशीय जहाज अधिनेम, मर्चंट शिपिंग अधिनेम आनी हेरांचें गिन्यान.

(iii) मुखेल बंदरांची संघटणां आनी विकास, अंतर्देशीय उदक परिवाहन, फेरी सेवा चलोवपाचो अणभव.

2. मरीन अभियंतो आनी जहाज सर्वेक्षक (Marine Engineer & Ship Surveyor) ……. 1पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणीः वेतन मॅट्रीक्स टप्पो 11 प्रमाणें** पिरायः 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यकः** (i) मर्चंट शिपिंग अधिनेम, 1958 (1958चो केंद्रीय अधिनेम 44) खाला जारी केल्लें पयलो श्रेणी अभियंतो (मोटर) म्हूण योग्यतायेचें प्रमाणपत्र.

(ii) विदेशांत प्रवास करपी/होम ट्रेड जहांजाचेर दुसरी श्रेणी अभियंतो म्हूण 3 वर्सांचो अणभव.

(iii) वैजकी मंडळा कडल्यान फॉर्म व्हिजन आनी कलर व्हिजन हातूंत दृश्टी चांचणेचें प्रमाणपत्र.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** : (i) अंतर्देशीय जहाज अधिनेम, 1917 (1917चो केंद्रीय अधिनेम 1), मर्चंट शिपिंग अधिनेम, 1958 (1958चो केंद्रीय अधिनेम 44) आनी भारतीय बंदर अधिनेम 1908 (1908चो केंद्रीय अधिनेम 15) हाचें गिन्यान.

(ii) मराठीचें गिन्यान.

## II.भौशीक भलायकी खातें

**मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था (Institute of Psychiatry and Human Behavior)**

**मानसोपचारांत व्याख्यातो (Lecturer in Psychiatry) ..... 2 पदां (1- हेर मागास वर्गिय, 1- अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** : (i)भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम,1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.(ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्था आसा, तातूंत वरिश्ठ निवासी / निबंधक / अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

## III. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

**सरकारी तंत्रनिकेतन ( Government Polytechnic)**

**भौतीकशास्त्र व्याख्यातो (Lecturer in Physics)............ 1 पद ( हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यकः** (i) मानविकी आनी विज्ञानाचे योग्य शाखेंत उण्यांत उणी प्रथम श्रेणी सयत पदव्युत्तर पदवी.

टीपः 'योग्य शाखा' म्हणल्यार गणीत, भौतीकशास्त्र, रसायनशास्त्र, इंग्लीश, भूगर्भशास्त्र ह्या सारकिल्ले विशय.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान.

## IV.पुराभिलेख खातें

**सहाय्यक पुरालेखपाल श्रेणी –I (Assistant Archivist Grade-I)........ 1 पद ( हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यकः** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान भारतीय इतिहास विशयांत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम.

(ii) दोन वर्सांचो अणभवः आधुनीक भारतीय इतिहासाचे संशोधन वा विद्यापीठ वा महाविद्यालयांत आधुनीक भारतीय इतिहास विशयाचे अध्यापन वा संबंदीत क्षेत्रांत काम करप.

(iii) मान्यताय प्राप्त संस्थे कडल्यान स म्हयन्यांचो पोर्तुगेज भाशेचो प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– (i)मराठीचें गिन्यान. (ii) मराठीचें गिन्यान (मोडी लिपी) (iii) अभिलेखीय विज्ञान/पुराभिलेख आनी नोंदी वेवस्थापनांत डिप्लोमा.

## V. उच्च शिक्षण संचालनालय

<u>सरकारी महाविद्यालय</u>

**सहाय्यक प्राध्यापकः तबला (Assistant Professor in Tabla)** .......1 पद(अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार बऱ्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55% गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) सक्तिची आसतली अशे तरेन, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चें मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया), पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवश्यकतायेची सूट दितले. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.